# प्रधानमंत्री टीबी मुक्त भारत अभियानात सहभागी जावपाचो उलो

**ता. 15 सप्टेंबर 2022**

प्रधानमंत्री टीबी मुक्त भारत अभियान, नि-क्षय 2.0, ही क्षयरोग आशिल्ल्या व्यक्तींखातीर समाजाकडल्यान मदत करपा खातीर मोहीम आसा. 2025 मेरेन क्षयरोगाचे निर्मूलन करप हे ह्या मोहिमेचे उद्दिश्ट आसा. ह्या मोहिमेअंतर्गत कोणूय व्यक्ती, कोणूय प्रतिनिधी वा संस्था टीबी दुयेंतीक दत्तक घेवपाक शकता आनी दत्तक घेतिल्ल्या दुयेंतीची काळजी घेवपात येतली.

NIKSHA 2.0 पोर्टल क्षयरोग दुयेंतीक कॉर्पोरेट सोशल रिस्पॉन्सिबिलिटी (CSR) संधींचो लाव घेवन उपचारांचे परिणाम सुदारपाक, समाजाचो सहभाग वाडोवपाक आनी 2025 मेरेन टीबी निर्मूलन करपाचे भारताचे उद्दिश्ट पूर्ण करपाखातीर अतिरिक्त मदत करता.

दुयेंतींची काळजी घेवपाखातीर फुडें येवपी व्यक्ती आनी संस्थांक "निक्षय मित्र" अशें पाचारले वतले. निक्षय मित्र मदतीचो कार्यकाळ एक वर्स ते तीन वर्सांमेरेन निवडाक शकता. ते राज्य, जिल्हा, ब्लॉक, भलायकी सुविधा लेगीत निवडपाक शकतात. डिजिटल पोर्टल निक्षय क्षयरोग दुयेंतीक सामाजीक मदतीखातीर एक व्यासपीठ उपलब्ध करून दिता. ह्या उपक्रमाखाला व्यक्ती, संस्था, कॉर्पोरेट, सहकारी संस्था, निर्वाचीत फुडारी आनी आपवावूरपी संस्था क्षयग्रस्त दुयेंतींक दत्तक घेवन तांका मदत करपाक शकतात.

क्षयरोग दुयेंतींक मदत करपाखातीर नोंदणी करपाक आनी दातो जावपाखातीर Nikshay 2.0 पोर्टलाचेर ( http://nikshay.in ) चेर लॉग इन करात. क्षयरोगाआडच्या ह्या चळवळीत संघटीतपणान सामील जावन क्षयरोग निर्मूलनाखातीर सहकार्य करपाचो उलो मारला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/537

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji